# इंडिया स्किल सर्त 2023

ता. 15 नोव्हेंबर 2023

गोंय सरकारचे कुशळटाय उदरगत आनी उद्येजकताय संचालनालय भारत सरकारच्या कुशळटाय उदरगत आनी उद्येजकताय मंत्रालयाखाला राष्ट्रीय कुशळटाय विकास म्हामंडळाच्या समन्वयान संवसारीक कुशळटाय सर्त 2024 च्या फांटभूंयेर भारत कुशळटाय सर्त 2023 त वाटो घेता आनी त्या खातीर गोंय राज्यांत स्क्रीनिंग पांवडो, जिल्हा पांवडो आनी राज्य पांवड्यार कुशळटाय सर्तींचे आयोजन करतले. ह्यो सर्ती सप्टेंबर 2024 त फ्रान्सात जावपी संवसारीक कुशळटाय सर्तीखातीरच्या निवडीचे मुळवें टप्पे आसात. गोंय राज्यांतल्या नवोदित आनी म्हत्त्वाकांक्षी कलावंतांक तांचे कलागुणांचे प्रदर्शन करपाची आनी राज्य, राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार वळख निर्माण करपाची ही एक खास संद आसा.

नोंदणीखातीर उमेदवार/सर्तकांचो जल्म 1 जानेवारी 2002 दिसा वा त्या उपरांत जाल्लो आसपाक जाय.

गोंय राज्याखातीर पर्यटन क्षेत्रातली निवडक कुशळटा पॅटीसेरी आनी कन्फेक्शनरी, रेस्टॉरंट सेवा, पाककला, बेकरी, हॉटेल रिसेप्शन, सौंदर्य आनी व्हेलनेस क्षेत्रात ब्युटी थेरपी आनी हेर ड्रेसिंग, कपड्यांच्या क्षेत्रात फॅशन तंत्रज्ञान, भांडवली वस्तू क्षेत्रात वेल्डिंग आनी इलेक्ट्रॉनिक्स क्षेत्रांत रेफ्रिजरेशन आनी एअर कंडिशनिंग कुशळटायेचो आस्पाव आसा.

नोंदणी खातीर https://www.skillindiadigital.gov.in/home चेर लिंक करचे. नोंदणी करपाची निमाणी तारीख 30 नोव्हेंबर 2023 आसा.

चड म्हायती खातीर परीक्षा कक्ष, कुशळटाय उदरगत आनी उद्येजकताय संचालनालय, तिसरो माळो , श्रमशक्ती भवन, पाटो-पणजी हांगा संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/876

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.